१५-०७-२०२६

सकाळी: ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

1. भारत आनी ब्रिटन हांचे मदीं जाल्लो व्यापक अर्थीक आनी वेपार कबलात (सीईटीए) आयजसावन लागू.

2. केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी. किशन रेड्डी आयज नवी दिल्लींत म्हत्वाच्या आनी धोरणात्मक खाण ब्लॉक्सच्या लिलावाचो आठवो पावंडो सुरू करतले.

3. भारतांत, हैदराबादांत आयजसावन ब्रिक्स कामगार आनी रोजगार मंत्र्यांची बारावी बसका जातली.

4. फिफा संवसारीक वस्तादपण सर्तींत काल रातीं जाल्ल्या पयल्या उपांत्य फेरीयेच्या खेळात स्पेन पंगडान फ्रान्स पंगडाचेर २ आड ० गोलांनी जैत मेळोवन निमण्या फेरीयेत पावल घाले.

5. भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी काल एडजबॅस्टन बर्मिंगहॅमात जाल्ल्या पयल्या एका दिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळात भारतान इंग्लंड पंगडाचेर स गड्यांनी जैत जोडले.

## भारत-ब्रिटेन सीईटीए

भारत आनी ब्रिटन हांचे मदीं जाल्लो व्यापक अर्थीक आनी वेपार कबलात (सीईटीए) आयज लागू जाला. हाचे वांगडाच समाजीक सुरक्षा कबलात-जाका डबल अंशदान कबलात (डीसीए) अशेंय म्हण्टात-य कार्यरत जाला, जाका लागून ब्रिटनांतल्या भारतीय वेवसायीक वेवसायिकांची हालचाल आनी स्पर्धात्मकताय वाडटली. ह्या इतिहासीक करारा खाला ब्रिटनाच्या बाजारांतल्या 99 टक्के टॅरिफ लाइन्सचेर शून्य शुल्काचो फायदो भारतीय निर्यातीक मेळटलो. भारत आनी ब्रिटन हांणी आपली रणनिती भागीदारी घटमूट करपाची आनी आपल्या लोकांक समृध्दी हाडपाची वांटून घेतिल्ली वचनबद्धताय ही कबलात दाखयता. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांकडेन उलयताना वाणिज्य सचीव राजेश अग्रवाल हांणी भारत-ब्रिटन व्यापक अर्थीक आनी वेपार कबलातीक भारताच्या वेपार प्रवासांतलो एक म्हत्वाचो वाटचिरो अशें वर्णन करून दोन मुखेल अर्थवेवस्थे मदीं फुडारा कडेन आशिल्ली अर्थीक भागीदारी स्थापन केल्या अशें सांगलें. हे कबलाती वरवीं भारत आनी ब्रिटन हांचे मदल्या द्विपक्षीय वेपार आनी गुंतवणूक संबंदांत नवो पावंडो सुरू जातलो अशें तांणी सांगलें.

## Mines

केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी. किशन रेड्डी आयज नवी दिल्लींत म्हत्वाच्या आनी धोरणात्मक खनिजांच्या ब्लॉक्सच्या लिलावाचो आठवो पावंडो सुरू करतले.

हातूंत ९ राज्यांनी पातळिल्ले २० महत्वाचे आनी धोरणात्मक खनिज ब्लॉक आसात, तातूंत 13 नव्यान वळखून घेतिल्ले ब्लॉक आनी दुसर् या यत्नांतल्यान 7 ब्लॉक दितात अशें खण मंत्रालयान सांगलां. निवळ उर्जा, प्रगत उत्पादन, सारें, संरक्षण आनी हेर रणनिती क्षेत्रां खातीर हीं खनिजां म्हत्वाचीं आसात. लिलावाचे सात पावंडे पुराय जाल्ल्यान मंत्रालयान 88 गंभीर आनी रणनितीच्या खनिज ब्लॉकांतल्या 56 ब्लॉकांचेर येसस्वीपणान लिलाव केला आनी 63 टक्क्यां परस चड यश दर साध्य केला. मंत्रालयान सांगलें, सलग लिलाव फेरयेंत उद्देगधंद्यांचो बळिश्ट प्रतिसाद सरकाराच्या पारदर्शक, स्पर्धात्मक आनी बाजार आधारित चौकटीचेर गुंतवणूकदारांचो वाडत आशिल्लो विस्वास दाखयता.

Sonowal

होर्मुझ सामुद्रधुनींतल्या दोन वेपारी जहाजांचेर हल्लो जाल्ल्यान अस्तंत आशियांत सागरी सुरक्षाविशी हुस्को वाडत आशिल्ल्यान संघर्शग्रस्त वाठारांत वावुरपी भारतीय खलाशांच्या सुरक्षे खातीर केंद्रीय बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी 'सीफॅरर-फस्ट' असो व्यापक उपक्रम सुरू केला. तांची सुरक्षीतताय आनी कल्याण सुनिश्चीत करपा खातीर मंत्र्यांनी सरकारातल्या सगळ्या संबंधित घटकांचा सहभाग आशिल्ली एकत्रित कृती योजना राबवपाचे निर्देश दिल्यात.

**Bharat tax**

**भारत टेक्स 2026 ही भारताची सगळ्यांत व्हडली संवसारीक टेक्सटाइल कार्यावळ काल नवी दिल्लीच्या भारत मंडपमांत सुरू जाली. केंद्रीय टेक्सटाइ मंत्री गिरीराज सिंह हाणी काल ह्या कार्यावळीचें उक्तावण केलें.**

**प्रधानमंत्र्यांच्या दृश्टिकोनातल्यान आयल्ली भारत टेक्स ही आंतरराश्ट्रीय कार्यावळ, या कार्यावळींत दर वर्सा प्रदर्शक, खरेदीदार, विक्रेते आनी भोंवडेकार हांची संख्या वाडत आसा. MSME आनी उद्देजक लेगीत भारत टेक्सांत वांटो घेतात अशें प्रसार माध्यमांकडेन उलयतना मंत्री गिरीराज सिंग हाणी सांगलें.**

## BRICS

**भारतांत आयच्यान हैदराबादांत ब्रिक्स कामगार आनी रोजगार मंत्र्यांची बारावी बसका जातली. दोन दिसांच्या बसकेंत भारताचे ब्रिक्स वांगडी देशांतले कामगार आनी रोजगार मंत्री आनी वरिश्ठ अधिकारी एकठांय येतले. केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ मनसुख मांडाविया हे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. समाजीक सुरक्षा मुखार व्हरप आनी कामगार बाजारपेठेचें औपचारीकीकरण आनी कामगार बळांत बायलांचो आस्पाव आनी तो वाडोवप अशा चार प्राधान्य क्षेत्रांचेर मंत्री विचार करतले. तशेंच रोजगार कार्यपंगडान तयार केल्ल्या घोशणापत्राचो मसुदोय बसकेंत विचार करून आपणायतले. कामगार बाजारपेठ धोरणां, कामगार कल्याण, कुशळटाय उदरगत आनी समावेशक रोजगार हांचे विशीं ब्रिक्स देशां मदीं सहकार्य घटमूट करपाचो हेतू आसा.**

**जयशंकर**

**विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी आयज ब्रुसेल्सात युरोपियन युनियनच्या विदेश वेव्हार आनी सुरक्षा धोरणाखातीरचे उच्चेले प्रतिनिधी काजा कल्लास हांची भेट घेतली. अस्तंत आशियात शांतीकाय आनी थिरताय सुनिश्चित करपाच्या गरजेवर तांणी चर्चा केली अशें एका सोशल मीडिया पोस्टात डॉ. जयशंकर हांणी म्हळे. दोनूंय फुडा-यांनी सुरक्षित दर्यादेग व्यापाराच्या महत्त्वाचेर लेगित चर्चा केली. पुरवण साखळीची लवचिकता सुनिश्चित करपाखातीर भारत-युरोपियन युनियन धोरणात्मक भागीदारी फुडे व्हरपाचेर लेगित हेवेळार चर्चा जाली अशेंय मंत्र्यांनी सांगले. वेपार, तंत्रगिज्ञान, सुरक्षा आनी संरक्षण ह्या मळांनी दोनूंय देशांमदले सहकार्य आनीक घटमूट जायत आशिल्ल्यान भारत-युरोपियन युनियन संबंधांखातीर हे एक इतिहासिक वर्स आसा अशें आनीक एका पोस्टात काजा कल्लास हांणी म्हळा.**

**ASH**

भूंय संपादनाच्या पुराय प्रक्रियेचे वेवस्थापन करपा खातीर रेल्वे भूमी पोर्टल सुरू करतले अशी म्हायती केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी आयज दिली. आतां कंटेनरांत रासायनीक साऱ्याची येरादारी करूं येता, वीज प्रकल्पांत तयार जावपी फ्लाय ऐश आतां कंटेनरांत व्हरतले, जाका लागून ताचो बारीक धुल्ल पर्यावरणाक दुशीत करूंक शकचो ना अशें वैष्णव हाणी म्हणला.

नासा

मूळ भारतीय आशिल्ले नासाचे अंतराळवीर अनिल मेनन हांणी काल भारतीय प्रमाणवेळेप्रमाण राती ८वरा जावन १७ मिनिटानी रशियाच्या सोयुझ एमएस-२९ यानातल्यान अंतराळात वचपाक भायर सरले. वैज्ञानिक संशोधन आनी नवे तंत्रगिज्ञानाचे प्रदर्शन हाचेर लक्ष केंद्रित आशिल्या आठ महिन्यांच्या मोहिमेचो भाग म्हूण ही तांच्या पयल्या अंतराळ प्रवासाची सुरुवात आसा. सोयुझ यानान कझाकस्तानातल्या बायकोनूर कॉस्मोड्रोम हांगाच्यान उड्डाण केले. तातूंत मेनन हांचेवांगडा रॉसकॉसमॉसचे अंतराळवीर प्योत्र डुब्रोव्ह आनी एना  किकिना आशिल्ले. यान प्रक्षेपणाच्या थोड्याच वेळात कक्षेत पावले आनी सुमार तीन वरांचो दोन कक्षीय प्रवास केल्या उपरांत, आंतरराष्ट्रीय अंतराळ स्थानकाच्या (आयएसएस) प्रिचाल मॉड्यूलाक आपसूक जोडले.

नासाच्या म्हायतीप्रमाण, नव्यान तयार केल्लो हो क्रू एप्रिल २०२७त सुमार आठ म्हयने हे कक्षीय प्रयोगशाळेत रावल्या उपरांत धरतरेर पावतले.

## हवामान

हवामान खात्यान आयज ओडिशात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला, तेखातीर रेड अलर्ट जारी केला. आयज बिहारांत आनी फाल्यां मेरेन ईशान्य भारत, छत्तीसगढ, झारखंड आनी अस्तंत बंगालांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. अंदमान आनी निकोबार जुंवे, अस्तंत बंगाल, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, केरळ, माहे आनी तेलंगणात जगलां आनी खर वारें वांगडा गडगड मारपाची शक्यताय आसा. फुडले दोन दीस कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी उत्तराखंडांत अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला. खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण फाल्यां मेरेन दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, उत्तर अंतर्गत कर्नाटक, पंजाब, रायलासीमा आनी उत्तर प्रदेशांत हवामान उश्ण उरपाची शक्यताय उक्तायला.

## फिफा

फिफा संवसारीक वस्तादपण सर्तीत काल रातीं अमेरिकेतील टेक्सासातल्या डॅलस स्टेडियमात जाल्ल्या पयल्या उपांत्य फेरीयेच्या खेळात स्पेन पंगडान फ्रान्स पंगडाक २आड ० गोलांनी जैत मेळोवन हे सर्तीतल्या निमण्या फेरीयेत आपली सूवात निश्चित केली. खेळाच्या २२ व्या मिनटाक मिकेल ओयार्झाबाल हांणे पेनल्टीचेर स्पेनखातीर

पयलो गोल केलो. त्याउपरांत ५८ व्या मिनटाक पेद्रो पोरोन दुसरो गोल केलो. आयज राती अर्जेंटिना आनी इंग्लंड ह्या पंगडामदी दुसरो उपांत्य फेरीयेचो खेळ जातलो. आयच्या जैतीवंत पंगडा आड स्पेन निमण्या फेरीयेत खेळतलो.

## क्रिकेट

भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी काल एडजबॅस्टन बर्मिंगहॅमात जाल्ल्या पयल्या एका दिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळात भारतान इंग्लंड पंगडाचेर स गड्यांनी जैत जोडले. पयली फलंदाजी करताना इंग्लंड पंगडान २५८ धावंड्यो केल्ल्यो. जो रूट हांणे ७६ आनी लियाम डॉसनान ६८ धावंड्यो केल्यो. भारताच्या अक्षर पटेल हांणे चार गडे बाद केले. उपरांत भारतान इंग्लंड पंगडान दिल्ले मोख ४५.२ शटकात चार गडी वगडावन २६२ धावा करत लक्ष्य पूर्ण केले. कर्णधार शुभमन गिल हांणे ८० जाल्यार अक्षर पटेलान नाबाद ५७ आनी वॉशिंग्टन सुंदर हांणे नाबाद ५२ धावंड्यो केल्यो. तीन खेळांच्या हे खेळामाळेतलो दुसरो खेळ १६ जुलैयाक कार्डिफात जातलो.